# सहकार क्षेत्रातल्यान अर्थिक उदरगत

प्रकाश एस. नाईक
म्हायती अधिकारी

नॅशनल को-ऑपरेटिव्ह युनियन ऑफ इंडिया, नवी दिल्ली हांणी जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्त्वांनुसार दर वर्सा उर्वरित देशाप्रमाण गोंयांतय राष्ट्रीय सहकार सप्तक मनोवपात येता. फाटल्या वर्सां प्रमाण ह्या वर्साय योगायोगान 14 नोव्हेंबर म्हळ्यार बालदिसा सावन राज्यांत सप्तकभर चलपी सहकार उत्सवाक सुरवात जाली.

ह्या वर्साच्या सहकार सप्तकाची संकल्पना "$5 ट्रिलियन अर्थवेवस्था आनी शाश्वत विकासाच्या उद्दिश्टांत सहकाराची भूमिका" अशी आसा.

अर्थवेवस्थेक चालना दिवपाखातीर राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार सहकारी संस्थांक प्रोत्साहन दिवपाची चड गरज आसा. गोंय राज्यान सहकार क्षेत्रातल्या प्रगती खातीर आनी अर्थ वेवस्थेच्या वाडीखातीर साबार येवजणो चालीक लायल्यात.

भारतातली सहकार चळवळ अधिकृतपणान सहकारी संस्था अधिनियम, 1904 च्या अंमलबजावणी पासून सुरू जाली. ह्या कायद्याखाला मुळाव्यो पतपुरवण संस्था स्थापन करपाक परवानगी दिली. उपरांत ह्या कायद्यात सहकारी संस्था अधिनियम, 1912 वरवीं बदल केलो आनी ह्या बदलाक लागून बिगर पतपुरवण संस्था आनी मुळाव्या सहकारी संस्थांचो महासंघ जावपाचो मार्ग सुलभ जालो. देशाच्या हेर भागांच्या तुळेन गोंयांत सहकार चळवळ थोडी उसरा सुरू जाली. 1961 वर्सा गोंय पुर्तुगेज राजवटीतल्यान मुक्त जाले उपरांत गोंयांत सहकार चळवळ आकार घेवपाक लागली.

गोंयांत पयली सहकारी संस्था मार्च 1963 वर्सा नगरगांव ह्या ग्रामीण वाठारात नगरगांव व्ही. के. एस. एस. सोसायटी ह्या नावान सुरू जाली. त्या उपरांत तेन्नाच्या गोंय दमण आनी दीव संघप्रदेश वाठारांतल्या सगळ्या ग्रामपंचायतींनी नागरगांव सहकारी संस्थेचो आदर्श घेवन आपल्या वाठारांनी सहकारी संस्थांची स्थापना सुरू केली. सहकारी संस्थांच्या स्थापणूकेतल्यान ग्रामीण अर्थवेवस्थेक उबारी येवपाक लागली आना ताचो फायदो राज्य आनी राष्ट्रीय अर्थवेवस्थेकय जालो.

केंद्रातल्या विद्यमान सरकारानय देशाच्या एकंदरीत अर्थिक विकासात सहकार क्षेत्राचे म्हत्त्व लक्षात घेवन स्वतंत्र सहकार मंत्रालयाची स्थापणूक केली. केंद्रीय गृहमंत्री श्री. अमित शहा हांच्या फुडारपणाखाला ह्या मंत्रालयामार्फत केंद्र सरकारान सहकार क्षेत्र आनी खास करून कृशी क्षेत्राच्या विकासाखातीर विवीध उपक्रम हातात घेतिल्ले आसात.

गोंय राज्यांत 31 मार्च 2023 मेरेन वट्ट 5439 सहकारी संस्थांची नोंदणी जाल्ली आसा. तातूंत गिरायक सहकारी संस्थां, घर निर्माण सहकारी संस्थां उद्देगीक, मार्केटिंग संस्थां, पशुपालन संस्थां, कर्मचारी संस्थांचो आस्पाव आसा. राज्यात घर निर्माण सहकारी संस्थांचो

आकडो 2914 आसा. तशेंच 1439 महिला आप मजत गट सहकारी संस्थां, 270 कर्मचारी सहकारी पतपुरवण संस्थां आसात. घर निर्माण सहकारी संस्थांच्या सदस्यांचो आकडो सुमार 72,072 जाल्यार कर्मचारी सहकारी पतपुरवण संस्थांवरवीं 75,693 सदस्य/कर्मचाऱ्यांच्यो अर्थिक गरजो पुराय जातात.

त्याचप्रमाण 127 अर्बन क्रेडिट संस्थां 7,64,380 सदस्यांक सेवा दिता. तशेंच राज्यांत चार अर्बन कोऑपरेटिव्ह बँको आसात. पुराय राज्यांतल्यान लोक ह्या बँकांच्या सुविधांचो लाव घेतात. गोंयांत अनेक दुद उत्पादक सहकारी संस्थांचीय स्थापना जाली. सद्या गोंयांत 185 दुद उत्पादक सहकारी संस्थां आसून ह्या संस्थामार्फत गोंयच्या जनतेक दुद पुरवण जाता.

तशेंच गोंयांत सद्या 127 अर्बन सहकारी पतपुरवण संस्थां आनी 264 कर्मचारी सहकारी पतपुरवण संस्थां आसात. गोंय राज्यांत 31 मार्च 2022 मेरेन वट्ट 5271 सहकारी संस्थांची नोंदणी जाल्ली आसा.

सहकारी संस्थांच्या कामकाजात पारदर्शकता हाडपा खातीर आनी सभासदांचे हित राखपा खातीर राज्य सरकारान गोवा सहकारी संस्था अधिनियम, 2001 आनी गोवा सहकारी संस्था अधिनियम, 2003 त विवीध सुधारणा केल्यो.

केंद्र सरकारच्या सहकार्यान आनी राज्य सरकारच्या प्रयत्नांतल्यान गोंयांत सहकार क्षेत्राक नक्कीच यश मेळटले आनी सहकार धारणाचे उद्दिश्ट पुर्ण जातले. जर हे उद्दीश्ट पुर्ण जाले जाल्यार भारताक 5 ट्रिलियन डॉलरची अर्थवेवस्था आनी शाश्वत विकासाचे उद्दिश्ट साकार जावपाक मजत जातली.

राज्य सरकारान सर्वांगिण आर्थिक विकासात सहकार क्षेत्राचे म्हत्त्व वळखून डिजीटायझेशन आनी हेर नाविन्यपूर्ण उपक्रमां वरवीं सहकार क्षेत्राक बळकटी दिवपाच्या प्रयत्नांक नेट दिला. गोंयांक स्वयंपूर्ण करपा खातीरय सहकार क्षेत्राची गरज आसा. सहकार मळार शिक्षणीक संदी उपलब्ध करून दिवपा खातीर सहकार क्षेत्रातले क्रॅश कोर्सिस आनी डिप्लोमा अभ्यासक्रम शिकोवपी प्रशिक्षण संस्था स्थापन करपाचो सरकार विचार करता.

जर संचालक मंडळ, भागधारक आनी सहकार क्षेत्राकडेन संबंधित सगळ्या भागधारकांनी समर्पण आनी प्रामाणिकपणान काम केले जाल्यार सहकार क्षेत्र अदीक मजबूत जातले आनी ग्रामीण अर्थवेवस्थेक उबारी येतली आनी राज्याच्या विकासाक हातभार लागतलो, हातूंत कसलोच दुबाव ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/882

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.